आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

24/11/2025 6.30 PM

सरकाराच्या नव्या कामगार सुदारणां वरवीं फुडाराच्या अर्थव्यवस्थेची वचनबद्धता, अनुपालन सोंपें करप बायलां कामगारांक सशक्त करप आनी जागतीक मोल साखळींत देशाची सुवात घटमूट करपाची वचनबद्धताय दिसून येता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडवीयाहान्चो एक लेख शेअर करतना मोदी हांणी भारत एक विस्वासपात्र जागतीक भागीदार म्हूण उदयाक संवसार मान्यताय दिता अशें स्पश्ट केलें.

न्यायाधीश सूर्यकांत हांणी आयज भारताचे 53वे मुखेल न्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतलो. नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या सुवाळयांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी तांकां पद आनी गोपनिय्तेचो सोपूत दिलो. हयावेलार उप राष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, आनी केंद्रीय मंत्रीमंडळाचे वांगडी हाजीर आशिल्ले.

नामनेचो अभिनेतो धर्मेंद्र आयज सवसारक अंतरले . ताची पिराय 89 वर्सां आशिल्ली. 65 वर्सांच्या कारकिर्दींत ताणे 300 परस चड लोकप्रिय चित्रपटांनी अभिनय केल्लो. ताणे 1960 वर्सा दिल भी तेरा हम भी तेरे ह्या चित्रपटातल्यान रुप्या पडद्याचेर पदार्पण केलें. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिग्गज अभिनेतो आनी पद्मभूषण पुरस्कृत धर्मेंद्राच्या निधनाचेर दुख्ख उक्तायलां. अभिनेतो धर्मेंद्र हाचें मरनान भारतीय चित्रपट उद्देगाक व्हड लुकसाण जाला . जायत्या कलाकारांनी ताचे कडल्यान प्रेरणा घेतिल्ली अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मून हाणी तांकां आर्गा ओपताना म्हणला.

द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपा खातीर भारत आनी कॅनडा मुक्त वेपार कबलात वाटाघाटी बेगीनुच करतले अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणला . आयज नवी दिल्लींत भारत-कॅनडियन बिझनेस चेंबरांत उलयतना श्री गोयल हांणी सांगलें की, भारताक कॅनडा वांगडा मुखेल खनिजां, निवळ उर्जा, अणुऊर्जा आनी पुरवण साखळी मळार सहकार्याच्यो व्हड संद आसत.

खाशेलो सघन सुदारणा फेज-II सुरू जाले उपरांत 99 टक्क्यां परस चड जनगणनेचे फॉर्म मतदारांत वांटल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. आतां मेरेन 50 कोटी 50 लाखां परस चड जनगणना फॉर्म वांटल्यात अशें आयोगान सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या चवथ्या दिसा णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासीत प्रदेशांनी वेंचणूक वळेरेचो एसआयआरचो दुसरो टप्पो सुरू जालो. छत्तीसगढ, गोंय, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, पुडुचेरी, लक्षद्वीप, अंडमान आनी निकोबार जुंवे अशे हीं राज्यां आनी संघराज्यां आसात. फुडल्या वर्सा 7 फेब्रुवारीक निमाणी वेंचणूक वळेरी उजवाडाक येतकच वेंचणूक वळेरेची व्हड प्रमाणांत सुदारणा सोंपतली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लचित दिसा निम्तान आयज आहोम जनरल लचित बोरफुकन हांकां ताच्या श्रद्धांजली ओपताना सांगले

शेतकारांच्या फायद्या खातीर एकात्मिक शेतीचेर सरकार लक्ष केंद्रीत करता अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत जाल्ले 6वे आंतरराष्ट्रीय कृशीशास्त्र काँग्रेसीच्या उक्तावण सुवाळयांत उलयतना ताणी सांगलें की,शेतकारांनी एकत्रीत शेतीक चालना दिवची. शेतकी शास्त्रज्ञांनी फुडल्या पांच वर्सां खातीर एकत्रीत शेती संबंदीत येवजण तयार करची असो उलो तांणी मारला.

राष्ट्रीय आयोगान देशभरांतल्या संकश्टांतल्या बायलांक बेगोंबेग मदत दिवपा हेतान बायलां खातीर नवो हेल्पलायन क्रमांक - 1 4 4 9 0 - सुरू केला. टोल फ्री क्रमांक आयोगाच्या सद्याच्या हेल्पलायनी कडेन जोडिल्लो सोपो रिकॉल शॉर्ट कोड म्हणून काम करता, जाका लागून बायलांक कसलोच कळाव करिनासतना मदत मागपाक मेळटा अशें आयोगान निवेदनांत म्हणलां. हिंसाचार, त्रास वा खंयच्याय प्रकारच्या संकश्टाक तोंड दिवपी बायलांक बेगोबेग मदत दिवपा खातीर राष्ट्रीय बायलां आयोगाच्या चालू यत्नांक नव्या हेल्पलायन क्रमांकाक बळगें मेळटा.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर एकसुरे सुवातिनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

पांचवे खेळो इंडिया विद्यापीठ खेळक  आयज राजस्थानांत सुरूवात जाली . देशभरांतल्या 230 विद्यापिठांतले सुमार पांच हजार विद्यार्थी-खेळगडे ह्या खेळां सर्तींत वांटो घेतात.